आकाशवाणी पणजीच्या

19.01.2025 at 7.20 pm

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

1 केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी 21 जानेवारीक गोंयांत भेट दिवन 2500 कोटी रुपया मोलाच्या चार म्हामार्ग विस्तार प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले

2 गोवा रसायन शास्त्र शिक्षक संघटनेन घडोवन हाडिल्या २२ साव्या वर्सुकी अधिवेशनात जावपी शैक्षणिक कार्यावळींनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या शिक्षकांनी वांटेकार जावंचे अशें एस. सी. आर. टी. न मागलां

3 श्री गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठाधिश श्री विद्याधीशतीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजी हांचें पर्वरी शाखा मठांत आयतारा आगमन जाले.

4 भारत आपल्या तेजस्वी आनी अभिनव विज्ञानिकांक लागून अंतराळ तंत्रगिन्यान मळार नवे मापदंड थारायता. जाणें करून फुडल्या आव्हानांक उपाय उपलब्ध जातले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

------------

Rajashri

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी 21 जानेवारीक गोंयांत भेट दिवन 2500 कोटी रुपया मोलाच्या चार म्हामार्ग विस्तार प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले. केद्रीय मंत्र्यालयान हया चार प्रकल्पाक हालीच मंजुरी दील्या.  राज्यांत जोडणी सुदारप आनी मुळावी बांदावळ वाडोवप हो प्रकल्पांचो हेत आसा. मडगांव ते काणकोण, मडगांव बायपास कडल्यान कंकळ्ळी मेरेच्या राष्ट्रीय म्हामार्ग एनएच 66 चो 7.2 कीलोमीटर लांबायेच्या रस्त्याच्या फोर लेनीखातीर 747 कोटी मंजुर जाल्ल्यात.मंत्र्यालयान बोर्डे ते काणकोण बायपास सुरु जायत मेरेन आनी काणकोण बायपासच्या शेवट ते कर्नाटकाच्या पोळे मेरेन 22.1 किलोमीटर लांबायेचो चारपदरी करपाखातीर 1,376 कोटी मंजुर करपाची घोशणाय केल्ली.21 जानेवारीक गडकरी एम ई एस कॉलेज जक्शन ते बोगामाळो जक्शनमेरेनच्या 455.5 कोटी खर्चाच्या 3.3 किमी फ्लाय ओवराच्या बांधकामाचो बुन्यादी फातर बसययतले. तशेंच सडा ते वेर्णापुरी हया मार्गार दाबोळी विमानतळार वचपाखातीर बांदिल्ल्या केबल स्टेड पुल आनी रस्तो आनी फ्लायओवर प्रकल्पाचे उक्तावण करतले.

Subhash

गोवा रसायन शास्त्र शिक्षक संघटनेन घडोवन हाडिल्या २२ साव्या वर्सुकी अधिवेशनात जावपी शैक्षणिक कार्यावळींनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या शिक्षकांनी वांटेकार जावंचे अशें एस. सी. आर. टी. न मागलां. १ फेबुवारीक गोंय विद्यापीठ सभाघरात जावपी हया

अधिवेशनांत - सौर ऊर्जा , आनी हरीत रसायन शास्त्र अशा विषयांचेर जावपी चर्चा सत्रांनी शिक्षकांनी वांटो घेवंचो अशें राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेच्यो संचालक सरीता गाडगीळ हांणी उजवाडायल्या पत्रकांत म्हळां. अखिल गोंय रसायन शास्त्र शिक्षक संघटणेचे २०० परस चड शिक्षक वांगडी आसात. ओंदू ह्या संघटणेंक २१ वर्सां पुराय जातात. रसायन शास्त्र शिक्षकांचे प्रस्न समजून घेवन ते सोडोवप तशेंच रसायन शास्त्रांत रूच आशिल्ल्या सगळ्यांक म्हळ्यार शिक्षक , प्राध्यापक , उद्देजक , विज्ञानीक , संशोधक अशा सगळ्यांक एकठांय हाडपी एक माची म्हूण अखिल गोंय रसायन शास्त्र शिक्षक संघटणा नेटान वावुरता.

GANESH

काक्र (कॅन्सर) दुयेसा सावन लोकांचे रक्षण करपाच्या हेतान सुरू केल्ली फिरत्या वॅनीवरवी काक्र तपासणी शिबिर शनवारा तुयें हांगा जालें. 121 बायलां आनी 91 दादले मेळोन 222 जाणांची तपासणी जाली. थानाच्या काक्राचे दुबावीत 13 बायलां जाल्यार थायरॉयड काक्राचो एक दुयेंती मेळ्ळो. अंदूच्या वर्साचे हे पयलेच काक्र तपासणी शिबीर आशिल्ले, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली.

गोंय वैजकी म्हाविद्यालय, दंत म्हाविद्यालय, पेडणे भलायकी केंद्र हांचे जोड पालवान काक्र तपासणी शिबीर जाले. गोंय सरकारान मोबायल वॅन वरवी काक्र तपासणेची मोहीम सुरू केल्या. दोतोर तशेच उपकरणा

आशिल्ली ही वॅन तरेकवार भलायकी केंद्रांत वता आनी काक्रा खातीर दुयेंतींची तपासणी करता. काक्राचे जे दुयेंती मेळटा तांचेर फुडें उपचार जाता.

Santosh

कुठ्ठाळे मतदार संघातल्या कुर्पावाडो हांगा झेड. पी. निधीतल्यान हातान घेतिल्ल्या पेवर्स घालवाच्या कामाची सुरवात झेड. पी. वांगडी मर्सियाना वाझ हांचे हस्तुकी जाली. ह्यावेळार उलयताना वाझ हाणी म्हळा, की त्या वाठारांतली पाय वाट फाटली २० वर्सा सांवन इबाडिल्ल्यान थाळाव्या लोकांक खूपच त्रास जाताले. पेवर्स घालपाचें काम फुडल्या दोन सप्तकां भितर पुराय जातलें. त्या उपरान्त आनिक १० लाख खर्च करून उदरगतीची कामां सुरू जातली

Ganesh

श्री गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठाधिश श्री विद्याधीशतीर्थ श्रीपाद वडेर स्वामीजी हांचें पर्वरी शाखा मठांत आयतारा आगमन जाले. स्वामींचो पर्वरी मठांत रावपाचो काळ 26 जानेवारी मेरेन आसतलो. पर्वरी मठांत रावपाची स्वामींची ही पयलींच वेळ आसा. ह्या काळांत गीत रामायण, संतवाणी, रक्षात्रय हवन, विष्णु हवन, लक्ष तुळसी अर्चना, दुर्गा नमस्कार, श्री सूक्त हवन, लक्ष कुंकुमार्चन, मुद्रा धारण आनी सत्यनारायण व्रत अशें धर्मीक विधी जातलें. 24 जानेवारीक सांजवेळा 6 वरांचेर सभा कार्यावळ आयोजीत केल्या. 26 जानेवारीक सांजवेळा 5 वरांचेर स्वामीजी फुडल्या सुवातेर रावपाक वच्चें पयलीं आशिर्वचन जातलें.

RAJASHRI

झुआरीनगर हांगाच्या  एम ई एस च्या वसंत जोशी महाविद्यालयाची प्राचार्य, स्तंभलेखक तशेच  शैक्षणिक संशोधक डॉ. मनस्वी मनोज कामत हांका शैक्षणिक क्षेत्रातल्या  योगदानाबद्दल 'ऑर्किड पुरस्कार २०२५' न भौमानीत केला .

सामाजिक कार्यकर्ती आनी शिक्षणतज्ज्ञ प्रा. राधिका नायक, पल्लवी साळगांवकर आनी  आशा आरोंदेकर हांच्या हस्तुकी प्रा. मनस्वी कामत हांका 'ऑर्किड पुरस्कार' प्रदान केलो.

प्राचार्य मनस्वी कामत फाटल्या  २५ वर्षांपासून शिक्षण क्षेत्रात कार्यरत आसात. तांणी 'खूपशा दिसाळ्यांनी  मराठी आणि इंग्रजीत  ५०० हून अधिक साप्ताहिक स्तंभांचे लेखन केला.  तरणाट्यां मदीं डिजिटल अर्थीक साक्षरताय पातळावपाच्या उत्कृश्ट वावराक लागून भारत सरकाराच्या मनीस संसाधन उदरगत मंत्रालयान  राष्ट्रीय पांवड्यार भोवमान  तशेच ‘रिबिल्ड इंडिया ट्रस्ट’ आनी गोंय सरका सरकारकडल्यान स्टार वुमन' पुरस्कारान तांका  सन्मानित केला.

मन की बात

भारत आपल्या तेजस्वी  आनी अभिनव विज्ञानिकांक लागून अंतराळ तंत्रगिन्यान मळार नवे मापदंड थारायता. जाणें करून फुडल्या आव्हानांक उपाय  उपलब्ध जातले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. आयज आकाशवाणीच्या मन  की बात कार्यावळीच्या 118व्या भागांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी देशान हालींच अंतराळ मळार केल्ल्या कामगिरीची तोखणाय केली.

देशांतलो पयलो खाजगी उपग्रह पुंज-फायरफ्लाय येसस्वीपणान प्रक्षेपण केल्ल्यान बेंगळुरूंतल्या अंतराळ स्टार्टअप पिक्सेल कंपनीची प्रधानमंत्री मोदी हांणीं तोखणाय केली. हें येस आत्मनिर्भरतायेचें म्हत्वाचें पावल आसा अशें प्रधानमत्र्यांनीं सांगलें. आधुनीक अंतराळ तंत्रगिन्यानाच्या मळार भारताची मुखेल सुवात दिसून येता आनी अंतराळांतल्या खाजगी मळाची तांक आनी नवकल्पना दाखयता अशें तांणी सांगलें.

संविधानाची अंमलबजावणी जावन 75 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ह्या वर्साच्या प्रजासत्ताक दिसाक खाशेलें म्हत्व आसा अशें तांणी सांगलां. बाबा साहेब आंबेडकर, डॉ राजेंद्र प्रसाद आनी डॉ श्यामा प्रसाद मुखर्जी सयत संविधान सभेच्या सगळ्या वांगड्यांक प्रधानमंत्री मोदी हांणी नमन केलां. ह्या व्हड फुडाऱ्यांच्या विचारांतल्यान देशांतल्या लोकांनी प्रेरणा घेवची अशें तांणी सांगलें. 25 जानेवारी हो राष्ट्रीय मतदार दीस हाचोय उगडास तांणी केलो. संविधानांत वेंचणूक आयोगाक आनी लोकशायेंत लोकांच्या सहभागाक व्हड म्हत्व दिला आनी फाटल्या दशकांत देशाची लोकशाय बळिश्ट आनी गिरेस्त जाल्या अशें तांणी सांगलें. वेंचणूक आयोगान तंत्रगिन्यानाचो वापर करून लोकशाय घटमूट केल्या अशें सांगून नागरिकांनी लोकशाय प्रक्रियेचो एक भाग जावचो आनी वेळोवेळ मतदानाचो हक्क वापरून ती घटमूट करची अशें आवाहन केलें. उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत अंदूंच्या कुंभ मेळ्याक तरणाट्यांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेतिल्ल्याचो उल्लेख करून तांणी समाधान उक्तायलें. कांय दिसां आदीं स्टार्टअप इंडिया

येवजणेक 9 वर्सां पुराय जाल्यात अशे प्रधानमंत्र्यानीं सांगले. ल्हान शारांनी अर्द्या परस चड स्टार्टअप चलयो चलयतात हाचीय प्रधानमंत्री मोदी हांणीं तोखणाय केली.

DIP

आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाक 31 मार्च 2025 मेरेन मुजत वाडयल्या. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करूक नाशिल्ल्या सगळ्यां पात्र रेशन कार्ड धारकांक 31 मार्च 2025 मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाची विनंती केल्या. अशां रेशन कार्डधारकांनी आपले आधारकार्ड संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण कार्यालयांत सुपुर्द करचे. 31 मार्च 2025 मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडूक नाशिल्ल्यांची नावां रेशन कार्ड तपशीलातल्यान वगळावपाक येतली आनी वगळायिल्ली नावां परत घालपा खातीर योग्य कारण दिवचे पडटले.

RAJASHRI

संस्कृत क्षेत्रात महत्त्वपूर्ण योगदान दिवपी संस्कृत भारतीन सववो आंतरराष्ट्रीय संस्कृत लघु चित्रपट महोत्सव गोवा सरकारच्या माहिती व प्रसारण खात्याच्या जोड पालवाना आयोजित केला. हो भव्य सुवाळो शुक्रर २४ जानेवारी क गोय मनरीजवण संस्थेच्या सभागृहात सांजे ३.३० क जातलो. . या कार्यक्रमाचे उक्तावण मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आणि आदित्य जांभळे यांच्या हस्तुकि जातले.

हा महोत्सव हे आदी  नाशिक मुंबई, नागपूर  आणि फाटल्या वरसा चेन्नईत  जाल्लो गोयांतल्या  पाच शाळांनी संस्कृत लघू चित्रपट सर्तीत वाटो घेतला  विद्यार्थ्यांनी तयार केलेले हे चित्रपट महोत्सवाचो खासा भाग आसतले .

संस्कृत भाषेचो  प्रसार, आधुनिक काळातील तिचे महत्त्व आणि संस्कृतमधल्या सृजनशीलतेक  प्रोत्साहन दिवप हो महोत्सवांचो हेत. विशेष म्हणजे, महोत्सवात सादर जावपी लघु चित्रपट हे व्यावसायिक चित्रपट दिग्दर्शकांनी तयार केलेले नासून संस्कृत भाषेच्या मोगातल्यान चित्रपट तयार केल्यात . भारतासयत  परदेशातूनय या महोत्सवा खातीर  लघु चित्रपट आयल्यात , अशी माहिती महोत्सव अध्यक्ष आनंद देसाई हाणी  दिली.

RAJASHRI

संरक्षण मंत्रालयाच्या पुनर्वसन महासंचालनालय (डीजीआर) आणि भारतीय उद्योग संघटना (सीआयआय) गोवा हांच्या जोड पालवान माजी सैनिकां खातीर  रोजगार मेळाव्याचे आयोजन केल्ले.  तातूंत ३० कंपनी वाटेकर जाल्ल्यो.  या कंपन्यांनी विविध रोजगार संधी सादर केल्या आणि माजी सैनिकांकडे  थेट संवाद साधला. उद्योजकतेचे मॉडेल्सय  मेळाव्यात सादर केले.

मेळाव्याचे उक्तावण  संरक्षण मंत्रालयाच्या माजी सैनिक कल्याण विभागाचे सचिव डॉ. नितेन चंद्र (आयएएस) यांच्या हस्तुकीं जाले. . सीआयआय गोवाचे अध्यक्ष आनी  गोवा शिपयार्ड लिमिटेडचे सीएमडी ब्रजेश कुमार उपाध्याय हे मुखेल सोयरे म्हण तर रिअर अडमिरल

अजय डी थिओफिलस आणि मेजर जनरल एस बी के सिंग (डीजीआर) - हांचे सयत हेर मानेस्त हजर आशिल्ले

Subhash

‘सायबर सुरक्षित गोंय’ मोहिमे अंतर्गत गोंय पुलिसांच्या सायबर गुन्यांव फाट्यांन शिक्षण खात्या वांगडच्या कबलातीवरवी ४५० माध्यमिक शाळां मेळून  राज्यभरांतल्या सुमार ४० हजार विद्यार्थ्यांक सायबर सुरक्षे संबंधीचे प्रशिक्षण दिले. हांचो लाव जाला. संगणक शिक्षकांचे प्रशिक्षण परवरेच्या एससीईआरटी सभाघरांत जाले. ह्या प्रशिक्षणा उपरांत शिक्षकांनी आपल्या संबंदीत शाळांनी सायबर जागृताय सत्रां घेवपाक सुरवात केली, ह्या वरवी गोंयभरांतल्या सुमार ३५ ते ४० हजार विद्यार्थ्यां मेरेन सायबर सुरक्षा शिक्षण पावले. सायबर गुन्यांवकारांची काम करपाची पद्धत , सुरक्षीत ऑनलायन पद्दती आनी सायबर गुन्यांवांक बळी पडचे न्हय म्हूण प्रतिबंधात्मक उपाय हांचे विशीं विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन मेळळे.

नमस्कार